**प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या हस्तुकीं मडगांव-मुंबय वंदे भारत ट्रेनीचो शुभारंभ**

ता. 27 जून 2023

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज मडगांव ते मुंबय वंदे भारत सेमी एक्सप्रेस ट्रेनीचो शुभारंभ केलो. मोदी हांणी भोपाळातल्या राणी कमलापती स्टेशनावयल्यान व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंग वरवीं वंदे भारत ट्रेनीक हिरवो बावटो दाखयलो.

मडगांवच्या रेल्वे स्टेशनार वंदे भारत ट्रेनीक येवकार दिवपा खातीर राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई; मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत; केंद्रीय बंदरे, जहाजबांदणी, उदकामार्ग आनी पर्यटन राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक; पर्यटन मंत्री श्री रोहन खवंटे; महाराष्ट्राचे नागरी पुरवण मंत्री श्री रवींद्र चव्हाण; खासदार श्री विनय तेंडुलकर; आमदार दिगंबर कामत आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

प्रधानमंत्री मोदीन धारवाड-बेंगळुरू, रांची-पाटणा, कमलापती-जबलपूर आनी राणी कमलापती-इंदोर वंदे भारत एक्सप्रेस रेल्वे गाडयांचोय शुभारंभ केलो.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी वंदे भारत ही भारतीय रेल्वे मळावयली क्रांती आशिल्ल्याचें म्हणलें. गोंय हे येरादारीच्या बाबतीत रस्तें, रेल्वे, उदकामार्ग आनी हवाईमार्ग अशां चारय मार्गांनी जोडिल्लें राज्य आसून राज्यांच्या सर्वांगीण विकासाखातीर ही सकारात्मक बाजू आशिल्ल्याचे तांणी सांगलें. मोपा विमानतळ सुरू जाल्या उपरांत दाबोळी विमानतळावयल्यान देशातल्या आनीक 20 शारांनी थेट कनेक्टिव्हिटी सुरू जाल्या. येणाऱ्या काळांत देशातले एकय शार राज्यांच्या विमानतळाकडेन जोडपाचे उरचे ना. तशेंच मुरगांव पोर्ट ट्रस्टाची सेवा राष्ट्रीय महामार्गाकडेन जोडपाचे कामय रोखडेच पूर्ण जातले. मुरगांव बंदरातल्यान व्हडा प्रमाणात पर्यटन उपक्रम सुरू करपाचो सरकारचो प्रयत्न आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

सध्या वंदे भारत ट्रेनीक मडगांव-मुंबय प्रवासाखातीर आठ तास लागतले, पुण मार्गाचे डबल ट्रॅकिंग जाल्या उपरांत पाच वरां लागतली. वंदे भारत ट्रेनीक लागून गोंयांक फायदो जातलो. मडगांव रेल्वे स्टेशन आधुनिक सुविधांनी सुसज्ज करपात येतले, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

वंदे भारत ट्रेन सुरू जाल्ल्यान राज्याच्या विकासाच्या बाबतीत हो दीस म्हत्वाचो आसून देशाच्या विकासाचे धोरण फुडें व्हरपाखातीर केंद्र सरकार आनी राज्य सरकार प्रयत्न करता, अशें श्रीपाद नाईक हांणी सांगलें. रेल्वे मंत्रालयान जाहिर केल्ले प्रमाण रोखडेच वंदे भारत ट्रेनीन स्लीपर कोच लेगीत जोडटले, अशेंय तांणी सांगलें.

पर्यटन मंत्री श्री रोहन खवंटे हांणी मोपा विमानतळ, नवीन जुआरी पूल, पत्रादेवी ते पोळे म्हामार्ग आनी आता वंदे भारत ट्रेनीक लागून गोंयची कनेक्टिव्हिटी सुलभ जाल्ल्याचें सांगलें.

महाराष्ट्राचे नागरी पुरवण मंत्री श्री रवींद्र चव्हाण हांणी वंदे भारत ट्रेनीतल्यान प्रवास करपी प्रवाशांक उत्कृश्ट सेवा-सुविधांचो अणभव मेळटलो अशी आस्त उक्तायली.

खासदार श्री विनय तेंडुलकर आनी आमदार श्री दिगंबर कामत हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

आमदार श्री उल्हास तुयेकर, मुख्य सचिव श्री पुनीतकुमार गोयल आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

कोकण रेल्वे कॉर्पोरेशन लिमिटेडचे मुख्य वेवस्थापकीय संचालक श्री संजय गुप्ता हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/521

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.